## **मुक्ती दिसाचीं समेस्त गोंयकारांक परबीं :** मुखेलमंत्री

18 डिसेंबर, 2023

19 डिसेंबर 1961 दिसा पुर्तुगेज राजवटींतल्यान 450 वर्सांनीं स्वातंत्र्य मेळिल्ल्या गोंयच्या मुक्ती दिसाच्या निमतान इतिहासीक आनी शुभ मुहूर्ताचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणीं गोंयच्या लोकांक मना-काळजासावन परबीं भेटयला.

गोंयच्या लोकांक दिल्ल्या संदेशात मुख्यमंत्र्यान म्हणालां की, "ह्या म्हत्त्वाच्या दीस हांव म्हज्या गोयकारांक परबीं दिता. फुडल्या पिळगेक सन्मानान जगपाक मेळचे ते खातीर आमच्या सुटके झुजार्‍यानी खर झूज दिवन आपल्या जिवाची आहुती दिली. आयज आमी खूब काळ चलिल्ल्या ह्या स्वातंत्र्य लढ्यांतल्या सुटके झुजार्‍यांच्या शौर्याचें आनी योगदाना खातीर अभिमानान याद करतात. मुक्तीच्या ह्या दिग्गजां विशीं हांव कृतज्ञताय व्यक्त करता. 19 डिसेंबर 1961 हो दीस गोंयच्या इतिहासांतलो उल्लेखनीय दीस जावन आसा.

फुडें मुखेल मंत्र्यान आपल्या संदेशांत म्हणलां की, “मुक्ती उपरांत आमचें राज्य घडोवपा खातीर अथक येत्न करपी फुडार्‍यांच्या येत्नांक आमी वळखतात. तांच्या द्दश्टींतल्यान सरकाराक प्रेरणा मेळटा. गोंय राज्य आयज मेरेन समाजीक, अर्थीक नदरेन, प्रगती करपी आनी आपल्या सांस्कृतीक दायजाक घट्ट धरून उबें आसा. शिक्षणीक, भलायकी, लोककल्याणाच्या मळार गोंय राज्यान उल्लेखनीय प्रगती केल्या. गोंयची भरभराट चालूच उरतली आनी नवी उंचाय मेळयतली” हातूंत दुबाव ना.

डॉ. सावंत हाणें फुडें म्हळा की, “आयज आमी मुक्ती दीस मनयतना सरकाराच्या 'स्वयंपूर्ण गोंय' ह्या उपक्रमांतल्यान राज्याच्या प्रगती खातीर वावरुया. एकत्रीत येत्नांतल्यान प्रगतीचें ध्येय साध्य करपा खातीर आमी सगळ्यांनी वाटचाल करुया. सगळ्या मळांचेर प्रगती मेळोवपा खातीर आमी स्वताक परतून समर्पीत करुया”.

आमच्या सशस्त्र दळाच्या पराक्रमा खातीर आमी तांकां सलाम करतात. वसाहतवादी राजवटींतल्यान आमच्या राज्याचे सुटके खातीर झुजपी सुटके झुजार्‍यांक ह्या दिसाक आमी आर्गां ओंपता. निमाणें, आमच्या नागरिकांक बरी भलायकी आनी समृद्धी मेळची अशी म्हजी इत्सा आसा. सगळ्यांक गोंय मुक्ती दिसाचीं परबीं.

--
--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.